# रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडिया
## चलन वेवरस्थापन विभाग

## नागरीकांची सनद

**1) नागरीकांच्या सनदीची उद्दीष्टां :**

नागरीकांची सनद ही चलनांतल्यो नोटी आनी नाणी बदली करपासंदर्भान तेच प्रमाण रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियाच्यो वितरण कचेऱ्यो आनी नियुक्त केल्ल्यो शाखांतल्यान दितल्या सेवांचें सारके प्रमाणीकरण हे संबंदान रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियान तयार करून दिल्ल्यो विविध सुविधा हाजेसंबंदान म्हायती पुरयता.

**2) आरबीआय वितरण कचेरींतल्यो उपलब्ध सुविधां :**

आरबीआयच्यो कचेऱ्यो जंय वितरण विभाग कार्यरत आसा थंय लोकांखातीर चलनातल्यो मळिल्ल्यो आनी फाटक्यो नोटी तेचप्रमाण चलनात नाशिल्ल्यो वा वापरून झिजील्ल्यो नाणी बदली करून दिवपाच्यो सुविधा उपलब्ध आसात. दरेक आरबीआय वितरण कचेरेत, कामकाजाचें वेळेन ही सुविधा नागरीकांक फुकट दिवपाखातीर रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडिया बांधील आसा.

**3) बदली करून दिवपाच्यो सुविधा उपलब्ध आशिल्ल्यो आरबीआय कचेऱ्यो :**

चलनातल्यो नोटी आनी नाणी बदली करून दिवपाची सुविधा रिझर्व्ह बँकेच्या सकयल दिल्ल्या विभागीय कचेरेतल्या काऊंटरांचेर उपलब्ध आसात. अहमदाबाद, बेंगलोर, बेलापूर (नवी मुंबय), भोपाल, भुवनेश्वर, चंदीगड, चेन्नई, गुवाहाटी, हैद्राबाद, जयपूर, जम्मू, कानपूर, कोची, कोलकाता, लखनौ, मुंबय, नागपूर, न्यू दिल्ली, पाटणा आनी थिरूवनंतपूरम हांगासल्ल्यो रिझर्व्ह बँकेच्यो विभागीय कचेऱ्यो. आरबीआय कचेरेंचे पत्ते आनी टेलीफोन क्रमांक जोडपत्रात दिल्ले आसात.

**4) बँकेच्या सार्वजनिक काऊन्टराचेर बदली जावपी चलनातल्यो मळील्ल्यो आनी फाटील्ल्यो नोटी आनी नाणी**

बँक कचेरेतल्या काऊन्टराचेर उपलब्ध आशिल्ल्या सकयल्ल्या सुविधांची म्हायती सामान्य जनतेच्या प्रतिनिधीन करून घेवपाक जाय. सेवेबद्दल म्हायती करून घेवपाची कृती आनी सेवाशुल्कासंबंदीची म्हायती तेचप्रमाण कागाळ निवारण प्रक्रियेसंबंदान सकयल दिल्ले आसा.

| अनु. क्र. | उपलब्ध सेवा | सेवा जाणून घेवपाची कृती | सेवा शुल्क | लागपी वेळ |
|---|---|---|---|---|
| I. | अ) नोटी आनी नाणी बदली करप आनी<br><br>ब) खराब जाल्ल्यो नोटी काऊंटराचेर बदली करप (थोड्योच नोटीखातीर) | बदली करून दिवपाची सेवा दरेक कचेरेच्या ज्या काऊंटराचेर उपलब्द करून दिल्ली आसा त्या काऊंटराचेर अनु. नं. दरेक बँकेच्या हॉलानी लायिल्ले आसात. नियुक्त केल्ले काऊन्टरासंबंदान म्हायती घेवपाक नियुक्त केल्ले काऊन्टरा वा चौकशी विभागांक भेट दियात. खंयच्याय अडचणीखातीर, नोडल ऑफीसराक मेळात की जाचे नांव बँकेतल्या हॉलान लायिल्ले आसा. | नि:शुल्क | बँकेच्या कामकाजाच्या वेळान रक्कम मेळटली. बँकेच्या कामकाजाची वेळ बँकेच्या हॉलान लायिल्ली आसा वा यासंबंदान चौकशी विभागाक मेळात. |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| II. | बदली करून घेवपाक टीएलआर कवरातल्यान सादर केल्ल्यो खराब नोटी (चड नोटींखातीर) | टीएलआर कवराखातीर नियुक्त केल्ले काऊन्टराचेर वचात वा चड म्हायतेखातीर चौकशी विभागाक भेट दियात. टीएलआर कवराचेर दिल्ली गरजेची म्हायती भरात. बदली करून घेवपाची रक्कम जंय भरपाची आसा त्या बँक / शाखा / खाते क्र. हाची नोंद टीएलआर कवराचेर करात.<br><br>बदली करून घेवपाची रक्कम सकयल दिल्ल्या मार्गांनी भरपाक जाता.<br><br>ईसीएस जमा : ईसीएसाकडल्यान आरबीआयक आदेस आयिल्लो आसत जाल्यार मागणी करप्याचो खाते क्रमांक ईसीएसाकडल्यान जमा जातलो.<br><br>पेमेंट ऑर्डर : मागणीदार जर थंयचोच निवासी आसत आनी ईसीएसाकडल्यान तसो आदेस मेळूंक ना जाल्यार.<br><br>मनी ऑर्डर : जर मागणीदार भायलो आसत आनी ताचे खंयचेय बँक खाते ना जाल्यार.<br><br>टीएलआर (ट्रीपल लॉक रिसेप्टेबल) कवरात बंद केल्ल्यो फाटील्ल्यो नोटी बँकेच्या कामाकाजाच्या वेळे उपरांत एक वरांमेरेन घेवपाक जाता. खंयच्याय अडचणेसंबंदान नोडल ऑफीसराक, जाचे नांव बँकेच्या हॉलात लायिल्ले आसा, संपर्क सादात. | ईसीएस<br>नि:शुल्क<br><br>मनी ऑर्डर (एमओ)<br>रू. 1000/– मेरेन कांयच पयशे लागचे नात. रू. 1000/– परस चड रकमेखातीर पोस्टाचे कमीशन लागतले.<br><br>डिमांड ड्राफ्ट (डीडी) धाडिल्ल्या रकमेचेर, बदली करपाची प्रत्यक्ष रक्कम जी मान्य केल्ली आसा.<br><br>पेमेंट ऑर्डर :<br>नि:शुल्क | ईसीएस<br>बदली करून दिवपाची रक्कम खराब जाल्ल्यो नोटी मेळपाच्या दिसासावन, कामकाजाच्या 4 दिसांभितर मागणीदाराच्या खात्यान जमा जातली.<br><br>एमओ/ डीडी/ पीओ<br>खराब जाल्ल्यो नोटी मेळपाच्या दिसासावन, कामकाजाच्या 4 दिसांभितर एमओ/ डीडी/ पीओ मागणीदाराक धाडटले. |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| III. | इन्शुअरर्ड केल्ले पाकीटातल्यान बदली करून घेवपाक सादर जाल्ल्यो, खराब जाल्ल्यो नोटी (चडात चड नोटींखातीर) | खराब जाल्ल्यो नोटी, इन्शुअरर्ड आनी रजिस्टर्ड केल्ले पाकीटातल्यान संबंदीत वितरण कचेरेतल्या मुखेल/उपमुखेल वेवस्थापकाचे नावाचेर धाडपाक जाय, की जाचो पत्तो चौकशी विभागात वा आरबीआयच्या वेबसायटाचेर उपलब्ध आसा.<br>धाडिल्ल्या नोटीसंबंदान पुराय म्हायती, धाडप्याचे नांव आनी पत्तो तेचप्रमाण ताज्या बँकेच्या खात्यासंबंदानची म्हायती सोबत जोडिल्ल्या पत्रान नमूद करपाक जाय.<br>बदली करून घेवपाची रक्कम ईसीएस कडल्यान बँकेच्या खात्याचेर घालतले.<br>बदली करून घेवपाची रक्कम पेमेन्ट ऑर्डर/डिमांड ड्राफ्ट/मनी ऑर्डरच्या स्वरूपात लेगीत मेळटले.<br>खंयच्याय अडचणेसंबंदान तुमी संबंदीत वितरण ऑफीसात टेलीफोनावयल्यान वा ईमेलाचो वापर करून संपर्क करपाक शकतात, जाची पुराय म्हायती आरबीआयच्या वेबसायटाचेर उपलब्ध आसा. | अ. नं. 2 मदीं नमूद केल्ले प्रमाण | ईसीएस<br>बदली करून दिवपाची रक्कम खराब जाल्ल्यो नोटी मेळपाच्या दिसासावन, कामकाजाच्या 15 दिसांभितर मागणीदाराच्या खात्यान जमा जातली.<br>एमओ/ डीडी/ पीओ<br>खराब जाल्ल्यो नोटी मेळपाच्या दिसासावन, कामकाजाच्या 15 दिसांभितर एमओ/ डीडी/ पीओ मागणीदाराक धाडटले. |
| IV. | खास प्रक्रीयेसकयल खराब जाल्ल्यो नोटी बदली करून घेवप (बदली करून घेवपाच्यो नोटी ज्यो एकदम कडक, खुब वायटतरेन जळिल्ल्यो, एकमेकांक पुरायेन दसून उरील्ल्यो जाका लागून त्यो हाताळपाक अयोग्य आसात वा काळावांगडा स्वत:ची मूळ वळख हारोवपाच्या स्थितीत आशिल्ल्यो.) | चवकशी विभागान संपर्क करात वा उपमुखेल वेवस्थापक, वेवस्थापक देयस्व विभाग हांका मेळात.<br>विहीत नमुन्याभितर अर्ज सादर करात.<br>अर्जावांगडा खराब जाल्ल्यो नोटी सादर करू नाकात.<br>देयस्व विभागाकडल्यान खंयच्या तारकेक नोटी बदली करून मेळटल्यो ते तुमका कळटले.<br>अशा थारिल्ल्या तारकेक खराब जाल्ल्यो नोटी घेवन देयस्व विभागान येयात. | अ. नं. 2 मदीं नमूद केल्ले प्रमाण | अ. नं. 2 मदीं नमूद केल्ले प्रमाण |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| | | खराब जाल्ल्यो नोटी बदली करपाचो दावो करपी त्यो नश्ट करपाची पद्धत तांका जाय जाल्यार पळोवपाक शकतात.<br>खराब जाल्ल्यो नोटी दसोवपाचो वा बऱ्यो करपाचो यत्न करूं नाकात. त्यो जशो आसात तशो हाडात. | | |
| V | नाणी दिवपी यंत्राद्वारा नोटांची नाण्यांवांगडा अदलाबदली. | नाणी दिवपी यंत्रावांगडा दिल्ल्या सूचनांप्रमाण कृती करात. खंयच्योय अडचणी असल्यो जाल्यार चौकशी विभागान वा नोडल अधिकाऱ्याक मेळात. | फुकट | यंत्राद्वारा कामकाजाच्या वेळेन रोखडेच पयशे मेळटात. |

5. ***रिझर्व्ह बँकेच्या दरेक विभागीय कचेरेन त्या विभागातल्या गिरायकांच्यो अडचणी सोडोवपी नोडल अधिकाऱ्याच्या नावाची म्हायती मेळटा.***

**6) कागाळ सोडोवप :**

वेगवेगळ्या विभागांकडल्यान दिवपी सेवांसंबदान जर तुमी समादानी नात वा तुमकां बँकेन आणीकय बऱ्यो सेवा दिवपासंबंदी सूचना करपाच्यो आसत जाल्यार सकयल दिल्ले प्रमाण तुमच्यो कागाळी/सुचनो आमच्यामेरेन पावोवपाक शकतात.

(i) बँकेच्या दालनान दवरिल्ल्या पारदर्शक कागाळ बॉक्सान तुमच्यो कागाळी/सुचनो उडयात.

(ii) चवकशी विभागातल्या कागाळ / सूचना पुस्तकान तुमच्यो कागाळी / सुचनो बरयात.

(iii) पोस्टान वा कोरियरान तुमच्यो कागाळी / सूचनो मुखेल वेवस्थापक / उपमुखेल वेवस्थापक, रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडिया (भारतीय रिझर्व्ह बँक), देय विभाग हांच्या नावानी धाडात.

(iv) ईमेलावयल्यान तुमच्यो कागाळी / सुचनो आमकां helpcm@rbi.org.in चेर धाडात.

(v) देयस्व विभागाच्या सकयल दिल्ल्या अधिकाऱ्यांवांगडा तुमी स्वत: मेळून वा दूरध्वनीवयल्यान तुमच्यो कागाळी/ सूचनेसंबंदान संपर्क करपाक शकतात.

| अनु. क्र. | अधिकाऱ्याचें नांव | हुद्दो | पत्तो | दूरध्वनी नं. | ई–मेल |
|---|---|---|---|---|---|
| 1. | | सरवेवस्थापक | | | |
| 2. | | उपसरवेवस्थापक | | | |
| 3. | | सह वेवस्थापक | | | |
| 4. | | कोषाध्यक्ष | | | |

(vi) **तुमच्या कागाळ / सुचना रोखडीच ध्यानान घेतले आनी कागाळ मेळिल्ल्या एका म्हयन्याभितर तुमच्या कागाळेचेर समादान दिवपी तोडगो काडपाची कृती अंमलात हाडटलें.**

**7) सेवेच्यो सर्वसामान्य तरतूदी :**

(i) रिझर्व्ह बँकेच्या नोटी बदली करपाच्या नियमांक लागून बँक वायट स्थितींन आशिल्ल्यो / फाटिल्ल्यो नोटी बदलून दिवपाचे काम प्रतिष्ठेन करता. जेन्ना वायट जाल्ली नोट तिची किंमत बदलवून दिवपाच्या योग्यतेची आसना तेन्ना ती न्हयकारतात आनी ती नोट घेवन येवप्याक ती न्हयकारपाचो सल्लो दितात. न्हयकारिल्ली नोट बँक दवरता आनी फुडल्या चार म्हयन्यांभितर ती नश्ट करता. नोट घेवन येवपी त्या नोटेसंबंदान परतून विचार करपासंबंदीचो अर्ज या चार म्हयन्यांच्या नोट राखून दवरपाच्या काळात संबंदीत देयस्व कचेरेन करपाक शकता.

(ii) नकली वा बनावट नोटी / नाणी बँक ताब्यान घेता आनी तेबदली ताची किंमत मात दिनात. अशो नोटी / नाणी घेवन येवप्याक तसो आदेश दितात आनी नोटी / नाणी बँक दवरून घेता.

(iii) भारतीय रिझर्व्ह बँकेन दिल्ल्या नोटींच्या सुरक्षेसंबंदीची म्हायती सामान्य लोकांखातीर बँकेच्या वेबसायट http://www.rbi.org.in/currency/banknotes.html वयर उपलब्ध करून दिल्ली आसा.

(iv) नोटी वा नाण्यांची मागणी गिरायकांचो प्रत्यक्ष वेव्हार / वैयक्तीक गरजेसंबंदानूच आसपाक जाय.

**8) वेवसायीक बँकांच्या खिडक्यांचेर बदली जावपी वायट स्थितीतल्यो नोटी आनी नाणी संबंदी :**

(i) भारतीय रिझर्व्ह बँकांच्यो कचेऱ्यो काय थारावीक केंद्राचेरूच आसात, ताका लागून वायट जाल्ल्यो नोटी / नाणी बदलून घेवपाची तेचप्रमाण नोटांची नाणी आनी नाण्यांच्यो नोटी बदलून घेवपाची सुविधा बँकेन शेड्युल्ड वेवसायीक बँकेत उपलब्ध केल्ली आसा. रंगलेल्यो नोटी बदलून दिवपाची सुविधा सगल्या सरकारी आनी खाजगी क्षेत्रातल्या बँकांमदी उपलब्ध केल्ली आसा जाल्यार वायट स्थितींत आशिल्ल्यो / फाटिल्ल्यो नोटी बदलून दिवपाची सुविधा काय भारतीय वेवसायीक बँकांच्या थारावीक शाखेंतूच उपलब्ध आसा. भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या दरेक शाखेतल्या चवकशी विभागात अशो वायट जाल्ल्यो नोटी बदली करून दिवपी थारावीक बँकांच्या शाखेविशयीची म्हायती उपलब्ध आसा. अशा थारावीक बँकांच्या सुचनाफलकाचेर खराब नोटी बदलून दिवपासंबंधी म्हायती लावपाचे तांका आदेश दिल्ले आसात. जर अशा बँकेच्या एकादऱ्या शाखेन वायट जाल्ल्यो नोटी बदली करपाक न्हयकार दिलो जाल्यार कागाळ करपी सामान्य मनीस आपली कागाळ संबंदीत वेवसायीक बँकेच्या अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक / मुखेल कार्यकारी अधिकारी हांचेकडेन करपाक शकता. जर कागाळेचेर समादान दिवपी तोडगो मेळूंक ना जाल्यार रिझर्व्ह बँकेच्या संबंदीत विभागीय कचेरेच्या नजरेन अशा तरेचें प्रकरण हाडून दिवंचें.

(ii) हेर बँकांच्यो शाखो, जशें सहकारी पतसंस्था आनी विभागीय ग्रामीण बँकांनी तांचें सोयीप्रमाण वायट जाल्ल्यो / फाटिल्ल्यो नोटी / नाणी बदलून दिवपाचें काम करपाची आस्त आसा. खूबच वायट स्थितीन पाविल्ल्यो नोटी बदलून दिवपाचो अधिकार मात ह्या बँकांक ना.

**9) सूचना / प्रतिक्रिया :**

सामान्य नागरिकांच्या खंयच्याय सभासदांक जर नागरिकांच्या सनदीसंबंदान सूचना / प्रतिक्रिया दिवपाची आसत जाल्यार तो मुखेल सरवेवस्थापक, चलन वेवस्थापन विभाग, भारतीय रिझर्व्ह बँक, मध्यवर्ती कार्यालय, अमर बिल्डींग, 4 थो मजलो, सर पी. एम. रोड, फोर्ट मुंबय – 400 001 हांका बरोवपाक शकता.

**ANNEX**

# भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या कचेरेंचें पत्तो आनी अधिकारक्षेत्र

| अनु. क्र. | भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या कचेरेंचें नांव आनी पत्तो | अधिकारक्षेत्र |
|---|---|---|
| 1. | सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>2 रो मजलो, गांधी पुलालागी,<br>अहमदाबाद 380 014 | गुजरात राज्य आनी दादरा आनी नगर हवेली आनी दमण आनी दीव हांचो केंद्रशासीत प्रदेस |
| 2. | सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>10/3/8, नृपथुंगा रोड,<br>बेंगलोर – 560 001ड | कर्नाटक राज्य |
| 3. | उप सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>पं. जवाहरलाल नेहरू मार्ग, पोस्ट बॉक्स नं. 16,<br>भुवनेश्वर – 751 001 | ओरीसा राज्य |
| 4. | सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>मुख्य बिल्डींग, शहीद भगतसिंग मार्ग, फोर्ट<br>मुंबय – 400 001 | व्हडली मुंबय म्हळ्यार मुंबय द्विप आनी उपनगरीय जिल्हे (साधारणपणान पश्चिम आनी मध्य रेल्वेचेर दरेकी दहिसर आनी मुलूंड जोडपी दक्षिणेची लायन) |
| 5. | उप सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>होशांगबाद रोड, पोस्ट बॉक्स नं. 32,<br>भोपाळ 462 001 | मध्य प्रदेश राज्य |
| 6. | उप सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>प्लॉट नं. 3, सेक्टर 10,<br>एच. एच. निर्मला देवी मार्ग,<br>सीबीडी, बेलापूर, नवी मुंबय – 400 614 | महाराष्ट्र आनी गोवा राज्यातलें अहमदनगर, कोल्हापूर, नासीक, पुणे, रायगड, रत्नागीरी, सांगली, सातारा, सिंधुदूर्ग, सोलापूर आनी ठाणे हें जिल्हे. |
| 7. | उप सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>सेंट्रल विस्ता, टेलीफोन भवनामुखार,<br>सेक्टर नं. 17, चंदीगड | हरियाणा, हिमाचल प्रदेश, पंजाब राज्ये आनी चंदीगड हो केंद्रशासीत प्रदेस. |
| 8. | सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>फोर्ट ग्लेसीस नं. 16, राजाजी सलाई,<br>पोस्ट बॉक्स नं. 40,<br>चेन्नई – 600 001 | तामीळनाडू राज्य आनी पाँडेचेरीचो केंद्रशासीत प्रदेस. |

| अनु. क्र. | भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या कचेरेंचें नांव आनी पत्तो | अधिकारक्षेत्र |
| --- | --- | --- |
| 9. | सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>स्टेशन रोड, पान बाजार, पोस्ट बॉक्स नं. 120,<br>गुवाहाटी, 781 001 | आसाम, अरूणाचल प्रदेस,<br>मणीपूर, मेघालय, मिझोराम,<br>नागालँड आनी त्रिपूरा राज्ये. |
| 10. | सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>6-1-65, सेक्रेटरीएट रोड, सयफाबाद,<br>हैदराबाद, 500 004 | आंध्रप्रदेस राज्य |
| 11. | उप सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>रेल हेड कॉम्प्लेक्स,<br>जम्मू – 180 012 | जम्मू आनी काश्मीर राज्य |
| 12. | सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>रामबूग सर्कल, टोंक रोड, पोस्ट बॉक्स नं. 12,<br>जयपूर – 302 004 | राजस्थान राज्य |
| 13. | सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>एम जी मार्ग, पोस्ट बॉक्स नं. 82/142<br>कानपूर – 208001 | उत्तर प्रदेस आनी उत्तरांचल राज्ये |
| 14. | सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक,<br>वितरण विभाग<br>पोस्ट बॅग नं. 49, कोलकाटा – 700 001 | सिक्कीम, प. बंगाल राज्ये<br>आनी अंदमान आनी निकोबार<br>हांचे केंद्रशासीत प्रदेस. |
| 15. | सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>मुखेल कार्यालय इमारत,<br>डॉ. राघवेंद्र राव रोड, पो. बॉ. नं. 15,<br>सिवील लाईन्स, नागपूर – 440 001 | छत्तीसगड राज्य आनी अकोला,<br>अमरावती, औरंगाबाद, बीड,<br>भंडारा, बुलढाणा, चंद्रपूर, धुळे,<br>गडचिरोली, हिंगोली, जळगाव,<br>जालना, लातूर, नागपूर, नांदेश,<br>उस्मानाबाद, परभणी, वर्धा,<br>यवतमाळ हे महाराष्ट्र राज्यातलें जिल्हें. |

| अनु. क्र. | भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या कचेरेंचें नांव आनी पत्तो | अधिकारक्षेत्र |
|---|---|---|
| 16. | सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>6 संसद मार्ग,<br>नवी दिल्ली – 110 001 | दिल्ली राज्य |
| 17. | उप सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>दक्षिण गांधी मैदान, पो. बॉक्स नं. 162,<br>पाटणा – 800 001 | बिहार आनी झारखंड राज्ये |
| 18. | उप सरवेवस्थापक<br>भारतीय रिझर्व्ह बँक, वितरण विभाग<br>बेकरी जंक्शन, पो. बॉक्स नं. 6507<br>थिरूवनंतपूरम – 695 033 | केरळ राज्य आनी<br>लक्षद्वीपाचो केंद्रशासीत प्रदेस. |